# उपराष्ट्रपती धनखड हांचे हस्तुकीं आचार्य चरक आनी ऋषी सुश्रुत हांच्या पुतळ्याचें अनावरण

ता. 22 मे 2025

भारताचे उपराष्ट्रपती श्री. जगदीप धनखड हांणी आयज राजभवन उद्यानात उबारिल्ल्या आयुर्वेदाचे जनक आचार्य चरक आनी शस्त्रक्रियेचे जनक ऋषी सुश्रुत हांच्या पुतळ्यांचे गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई आनी मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या विशेंश उपस्थितीत अनावरण केले.

ह्या वेळार उपस्थितांमदी उपराष्ट्रपतीची घरकान्न डॉ. सुदेश धनखड, केंद्रीय ऊर्जा आनी नवीनीकरण ऊर्जा राज्यमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक, राज्यसभा खासदार श्री. सदानंद तानावडे, गोंय विधानसभेचे उपसभापती श्री. ज्योशुआ डिसौजा, वीज मंत्री श्री. सुदिन ढवळीकर, आमदार आनी हेर मानेस्तांचो आस्पाव आशिल्लो.

ह्या वेळार आयोजीत सुवाळ्यात उलयतना उपराष्ट्रपती श्री. जगदीप धनखड हांणी देशाच्या सैन्य दळांनी आमकां भारतीयांक अभिमानीत केल्ल्याचे सांगून ऑपरेशन सिंदूराची तोखणाय केली. ऑपरेशन सिंदूरा वरवीं संवसाराक स्पश्ट संदेश दिला की भारत खंयच्याय परिस्थितीत आतंकवाद खपोवन घेवचो ना. आतंकवाद सोपोवप हेच भारताचे उद्दिश्ट आसा आनी त्या खातीर अशें ऑपरेशन आवश्यक आसा. ह्या ऑपरेशनातल्या प्रत्येकाक भारताची तांक समजल्या, अशें सांगून तांणी प्रधानमंत्र्यांच्या निर्णयाची तोखणाय केली.

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांच्या वावराची आनी खास करून राजभवन उद्यानात विकसीत केल्ल्या वामन वृक्ष कला (बोन्साय) उद्यानाची तोखणाय करून उपराष्ट्रपतीन सांगलें, भलायकीविशी गिन्यान मेळोवपाक अथर्व वेदाक भांगराची खण मानली वता. पुरातन भारतीय वैजकीय पद्दतीत आयुर्वेदाक मुखेल आनी म्हत्वाचे स्थान आसा. आमच्या पुरातन वैजकीय पद्दतीचो आदार घेवन नवीन वखदां तयार करपाचेर भर दिवपाची गरज आशिल्ल्याचेय उपराष्ट्रपती धनखड हांणी सांगलें.

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी आपल्या वावराची म्हायती दितना आपणे गोंयचे राज्यपाल पदाचो ताबो घेत सावन गोवा ग्राम संपुर्ण यात्रा, सैमिक दायज यात्रा, द्विप परिचय यात्रा, गोवा गिर्यारोहण यात्रा अशां यात्रांच्या माद्यमांतल्या गोंय राज्यांतल्या ग्रामीण तशेंच शारी वाठारांनी भेट दिवन लोकांकडेन संपर्क सादला, अशें सांगलें.

वामन वृक्ष कला (बोन्साय) उद्यानाची म्हायती दितना राज्यपालान उद्यानात 1008 प्रकारची झाडां आसून सरकारी सुवातेत तयार केल्ले भारतातले हे सगळ्यात व्हड उद्यान आसतले. राजभवनाच्या वाठारांत उबारिल्ल्या ह्या उद्यानाक लोकांनी आनी खास करून विद्यार्थी आनी शिक्षकांनी भेट दिवची, असो उलो राज्यपालान मारलो.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी राज्यपालाच्या वावराची तोखणाय करतना बोन्साय गार्डनात 1008 प्रकाराची झाडां आसप हो गोंयच्या राजभवनाचो खाशेलो उपक्रम आसा, अशें सांगलें.

राजभवन उद्यानात आयुर्वेदाचे जनक आचार्य चरक आनी शस्त्रक्रियेचे जनक ऋषी सुश्रुत हांचे पुतळे उबारिल्ले खातीर समाधान व्यक्त करून शस्त्रक्रियेचे जनक ऋषी सुश्रुत हांचो पुतळो फकत मेलबोर्न हांगाच्या नामनेच्या रॉयल ऑस्ट्रेलीयन कॉलेजीन प्रदर्शीत केल्लो आसा, अशें संगलें. आचार्य चरक आनी ऋषी सुश्रुत हांच्या पुस्तकांनी आंमकां विंगड विंगड दुयेसां आनी तांचेर उपचार-वखदां विशीं सखोल म्हायती मेळटा,अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

गोंयच्यो प्रथम महिला श्रीमती रिता श्रीधरन पिल्लई, मुख्य सचीव डॉ. व्ही. कांदवेलू, राज्यपालाचे सचीव श्री. संजीव सी. गावस आनी हेर मानेस्त ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/481

--
--------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.